आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

Date :05 /05/2025

प्रादेशिक खबरो

7.20 pm

मुखेल खबरो

तांत्रीक शिक्षण संचालनालय वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, वास्तुशिल्पकला,आयुर्वेदीक तशेंच हेर वेवसायीक अभ्यासक्रमाच्या प्रवेशाचे अर्ज बुधवार, ७ मे सावन स्वीकारतले

भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन ॲथॉरिटी UIDAI न/ नवी दिल्लीत जाल्ले राष्ट्रीय पात्रताय प्रवेश परिक्षा नीट (यूजी) 2025 वेळार चेहऱ्या प्रमाणीकरणाच्या वापराचेर संकल्पना पुरावो यशस्वीपणान केलो.

शिरगावच्या लयराई जत्रेत जाल्या खेटाखेटी उपरांत लयराई देवस्थान समितीन फाल्या जावपी कौलां उत्सवा खातीर अनू भयल्या भाविकांक देवळात भीतर येवपाक मनायी केल्या .

अस्नोडा उदका प्रक्रिया प्रकल्पाचे दुरूस्ती कामाक लागून 7 आनी 8 मे 2025 दिसा पुराय बार्देस तालुको आनी दिवचल तालुक्यातल्या कांय वाठारांत मर्यादीत उदका पुरवण जातली अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

--------------

तांत्रीक शिक्षण संचालनालय वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, वास्तुशिल्पकला,आयुर्वेदीक तशेंच हेर वेवसायीक अभ्यासक्रमाच्या प्रवेशाचे अर्ज बुधवार, ७ मे सावन स्वीकारतले. ७ मे ते १६ मे २०२५ ह्या काळांत अर्ज स्विकारतले.वैजकी (एमबीबीएस), अभियांत्रिकी (बीई), फार्मसी, आयुर्वेदीक, होमीओपथीक ह्या पदवी अभ्यासक्रमाची प्रवेश प्रक्रीया तांत्रीक शिक्षण संचालनालया वतीन जाता. वैजकी, दंत, आयुर्वेदीक, होमीओपथीक ह्या अभ्यासक्रमा खातीरचो प्रवेश नीट परीक्षेच्या गुणांचेर आदारून आसा. अभियांत्रिकी अभ्यासक्रमाचो प्रवेश जेईई परीक्षेच्या गुणांचेर आधारून आसतलो. नीट परीक्षा आयतार ४ मेक जाली. गोंयच्या

५ हजार विद्यार्थ्यांनी नीट परीक्षा दिली. प्रवेश परीक्षांचे निकाल जाहीर जाले उपरांत पात्रताय आनी गुणवत्ता वळेरी जाहीर करतले. हाच्यो तारखो वेळा प्रमाण जाहीर करतले. अशी म्हायती तांत्रीक शिक्षण संचालनालयाच्या सुत्रां कडल्यान मेळ्ळी. वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी आनी हेर मेळून वेवसायी अभ्यासक्रमां खातीर राज्यांत सुमार अडेज हजार सुवातो आसात.

गोंयच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळावेल्यान ह्या हंगामासांवन आंबो निर्यात सुरू जाल्या. जीएमआर गोवा एअर कार्गोन एअर अरेबियावरवी शारजाहाक 3368 किलो ताजे हापूस आंबे आशिल्ली सीझनाची पयली शिपमेंट फाटल्या सप्तकांत धडल्या. जीएमआर गोवा एअर कार्गो, मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळान कोंकणतल्या सिंधुदुर्गाचे "शिवकोंकण शेतकार उत्पादक कंपनी लिमिटेड" आनी "श्रीवली एग्रो" हांणी हे आंबे धाडल्यात. गोंयांतल्यान युएईंत थळाव्या आंब्याची निर्यात ही पयलीच खेपे जाल्या. जीएमआर गोवा एअर कार्गो, मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळान वेवसायाक नवो मार्ग उक्तो केला. रत्नागिरी आनी देवगड हापूस आंब्यांक मध्य उदेंत आनी युरोपीय बाजारांत चड मागणी आनी बरो दर मेळटा.

UIDAI

भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन ॲथॉरिटी UIDAI न/ नवी दिल्लीत जाल्ले राष्ट्रीय पात्रताय सह प्रवेश परिक्षा नीट (यूजी) 2025 वेळार चेहऱ्या प्रमाणीकरणाच्या वापराचेर / संकल्पन पुरावो (पीओसी) यशस्वीपणान पार केलो. काल नॅशनल टेस्टिंग एजन्सी एनटीएन ही परिक्षा घेतली. भारतांतल्या एका व्हडल्या प्रवेश परिक्षे खातीर उमेदवारांची वळख तपासपा खातीर आधार आदारीत चेहऱ्या प्रमाणीकरणाची कार्यक्षमताय आनी परिणामकारकतेचे मूल्यांकन करपाचो हेतू पीओसीचो आशिल्लो.

हो उपक्रम राष्ट्रीय म्हायती केंद्र NIC आणि NTA हांच्या सहकार्यान चालीक लायला, जो प्रगत बायोमेट्रीक तंत्रज्ञान वापरून परिक्षेची सुरक्षा आनी उमेदवार सत्यापन प्रक्रिया वाडोवपाचे दिकेन म्हत्वाचें पावल आसा. पीओसी वेळार दिल्लींतल्या काय वेंचिक नीट केंद्रांनी आधार मुखामळ प्रमाणीकरण तंत्रज्ञान वापरलें आनी एनआयसीच्या डिजिटल मुळाव्या साधनसुविधां कडेन आनी एनटीएच्या परिक्षा प्रोटोकॉलांत एकठांय केल्लें.

दिवचल तालुक्यात  शिरगावच्या श्री लयराई देवीची कौलां भक्ती भावान आणि शांततायेन सुरू जाल्या. जत्रेत  झाल्या खेटाखेटी  उपरांत गोंय सरकार  तशेच श्री लयराई देवस्थान समिती यांच्या संयुक्त जोडपालवान कौलां उत्सव बरे तरेन आणि सुरळईतपणान चालू आसा. हे संबंधान खासा बसका जाली आणि हे बस्केत शांततायेन कौलां आयोजित करपासंबंदान उपाययोजना आखल्या. त्याच प्रमाण फाल्या मंगळारा दिसा देवी परत देवळात वचपाचो सुवाळो जातलो.  या सोहळ्याक खबरदारीचो उपाय म्हणून देवीचे चौगुले ,महाजन तसेच देवस्थान समिती यांच्या हजेरीत देवी परत देवळात वचपाचो सुवाळो  जातलो. हेअर भाविकांक मनाय आसतली अशें देवस्थानचे अध्यक्ष दीनानाथ गावकर हाणीं सांगले.

पुलीस निरिक्षकांक तालांव दिपाचे हक्क दिसाचे फकत दिल्ल्यान येरादारी नेमांक पळो दिनाशील्ल्यांचेर पुलिसांची कारवाय खूब उणी जाल्या. देखून दिसाच्या वेळार उप पुलीस निरिक्षक वा येरादारी पुलिसांक तालांव दिपाक मेकळीक दिवपाविशींची चर्चा उत्तर गोंय जिल्लो रस्तो सुरक्षा समितीचे बसके वेळार जाली.

अतिरीक्त जिल्लोधिकारी महादेव आरोंदेंकार हांच्या फुडारपणाखाला पणजे जिल्लोधिकारी केचेरेंत उत्तर गोंय जिल्लो रस्तो सुरक्षा समिती बसका जाली. ह्या वेळार पुलीस खात्याचे, येरादारी खात्याचे तशेंच हेर संबंदीत खात्याच्या अधिकाऱ्यां सयत आप वावुरपी संस्था गोवा कॅनचे वांगडी हे बसकेंत हजर आशिल्ले. सरकारान येरादारी नेम मोडप्यांचेर तालांव दीपाचे अधिकार दिसाचे पुलीस निरिक्षक आनी रातच्या वेळार पुलीस निरिक्षक आनी उप निरीक्षकांक आसात. जर ह्या पदा सकयले कोण अधिकारी तालांव दिता आसत जाल्यार तांचेर कारवाय जातली अशी शिटकावणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्ली. मात मुख्यमंत्र्यान ही घोशणा केले उपरांत पावला पावलार पुलीस तालांव दिवपाच्या प्रकारांत सामकोच उणाव दिसून आयलो.हे विशीं चर्चा समितीचे बसकेंत जाली.

सांखळी नगरपालिका वाठारांतल्या  साखळीच्या  दर सोमरच्या सप्तकी बाजारात पुरुमेताचो बाजार तशेच सामान खरेदी करपा खातीर आनी विक्री करपाखातीर साखळी नगरपालिकेन खास उपाययेवजणो  आखल्यात अशी माहिती साखळीची नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी दिल्या. साखळी हो दिवचल म्हालातलो तसेच सत्तरी म्हालांतलें लोकांखातीर एक महत्त्वाचो

असो बाजार. या बाजारात आज तशेच फुडले दोन सोमारा भरपी सप्तुकी बाजारात पुरुमेंताचे सामान उपलब्ध करून दिवपाखातीर विक्रेते आणि ग्राहकाच्या बऱ्याखतीर खास उपाययोजना पालिकेन आखल्यात. हे पालिकेन जे बदल बाजारात केलेले आसा त्या उपाययोजनांक सगळ्या नागरिकांनी आणि विक्रेत्यांनी पालोव दीवपाची गरज आसा. इतलज मजगती साखळी पालिकेन येरादारीत जे बदल केल्यात

ताका सहकार्य करपाचे आवाहन नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी केलां.

**पहलगाम हल्ल्या उपरांत देशभरांतल्या अनवळखी व्यक्तींची पुलिसांनी तपासणी सुरु केल्या हेच फाटभुंयेचेर 26 एप्रील ते 4 मे मेरेनच्या 9 दिसांच्या काळांत दक्षिण गोंय पुलिसांनी दक्षिण गोंयांत 200 कोम्बींग कारवाया◌े करताना 11 हजार 930 लोकांची तपासणी केल्या.**

**दक्षिण गोंयांत वट्ट 17 पुलीस स्टेशनां आसात, तातूंत मुखेलपणान मडगांव, वास्को, काणका◌ेण आनी फोंडा अशीं चार मुखेल पुलीस स्टेशनां आसात. दक्षिण गोंयचे पुलीस अधीक्षक टिकम सिंग वर्मा हांणी आयतारा फक्त एका दिसांत केल्ल्या कोम्बींग कारवायांनी वट्ट 164 जाणांची तपासणी केल्ल्याची म्हायती दिली.**

**दक्षिण गोंय पुलिसांनी 26 एप्रील ते 4 मे ह्या काळांतली आंकडेवारी जाहीर केल्या, ते प्रमाण ह्या 9 दिसांनी दक्षिण गोंय पुलिसांनी वट्ट 9 हजार 209 भाडेकार, 422 कामगार, आनी 125 अनवळखी लोकांची तपासणी केल्या. ह्याकाळात वट्ट 1 हजार 353 जाणांक पुलिसांनी ताब्यांत घेतले, तातूंतल्या 48 जाणांक अटक केली.**

**ह्या काळांत दक्षिण गोंय पुलिसांनी वेगवेगळ्या हॉटेलांनी रावपी पर्यटकांचीय तपासणी केली. ह्या काळांत 423 हॉटेलांची तपासणी करून थंय रावपी 315 विदेशी नागरिकांची तपासणी जाली. मजगतीं, दक्षिण गोंयांत 123 काश्मीरी मेळ्ळयात अशी म्हायती वर्मा हांणी दिली.**

**दिवचल नगरपालिका वाठारांत रावपी नागरिकांनी तशेच दिवचल पालिका वाठारात आशिल्ल्या व्यापाऱ्यांनी आपापले कर तशेच आपापली घरपट्टी आनी व्यावसायिक कर दिवचल नगरपालिका कार्यालयात भरपाचे आवाहन दिवचल नगरपालिकेचे नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं केला. श्री नाटेकर हाणीं आकाशवाणीच्या खबराकाराकडेन उलयताना सागले की नगरपालिका वाटारातल्या ज्या नागरिकांनी आपली वर्सुकी घरपट्टी अजून पालिका कार्यालयात भरूंक ना तशेच ज्या व्यापारानी आपलो व्यावसायिक कर, ऑकटरोय तसेच हेअर संबंधी कर अजून पालिका कार्यालयात भरूंक ना, ताणी बेगोबेग आपलो कर, घरपट्टी नगरपालिका कार्यालयात भरपाक जाय अशें नगराध्यक्ष विजयकुमार नाटेकर हाणीं सांगलें.**

**अस्नोडा उदका प्रकल्पातल्यान मर्यादीत उदका पुरवण**

अस्नोडा उदका प्रक्रिया प्रकल्पाचे दुरूस्ती करपाचे आशिल्ल्यान ता. 7 आनी 8 मे 2025 दिसा पुराय बार्देस तालुको आनी दिवचल तालुक्यातल्या कांय वाठारांत मर्यादीत उदका पुरवण जातली. गिरायकांनी ह्या गैरसोयिची नोंद घेवची, अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

अखिल भारत नागरी सेवा सांस्कृतीक आनी खेळां मंडळा वतीन गोंय सरकारच्या खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या जोड पालवान 21 ते 30 मे 2025 मजगती गोंयांत अखील भारत नागरी सेवा बुद्दीबळ सर्तीचे आयोजन केला. ह्या सर्तीच्या फांटभुंयेर गोंय राज्य नागरी सेवेतल्या दादले आनी बायलांच्या पंगडांची निवड करपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान निवड चाचणी आयोजीत केल्या. निवड चाचणी 6 आनी 7 मे 2025 दिसा बॅडमिण्टन हॉल, पेडे म्हापसा हांगा जातली. दादले आनी बायलां खेळगड्यांनी 6 मे दिसा सकाळी 9.00 वराचेर खात्याचे वळखपत्र आनी खेळां सामानासयत सर्तीच्या थळार हजर रावचे. सरकारी खात्यांनी नियमीत कर्मचारी म्हूण काम करपी इत्सुक खेळगड्यांनी ए. पी. ई.. ओ. श्रीमती आंतोनेता पिंटो ( मो. 9822481805) हांचे कडेन संपर्क करचो.

**आनी आतां हवामान**

राज्यांत चडांत चड आनी उण्यांत उणे तापमान वाडिल्ल्यान राज्यांतली गरमी वाडल्या.पणजेचें तापमान चडांत चड ३६.१ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान 25.8 अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां. मुरगावात तापमान चडांत चड ३५.४ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणे तापमान २६.०० अंश सेल्सियस इतलें नोंद जालां. पणजी वेधशाळेन फुडल्या सात दिसांखातीर राज्यांत चडांत चड तापमान ३५ तें ३६ अंश सेल्सियस आनी उण्यांत उणें तापमान २६ तें २७ अंश सेल्सियस मदीं आसतलें असो अदमास उक्तायला .फुडल्या ३ तें ४ दिसांत राज्यांतलें हवामान सुकें उरपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे 7:30 वरांचेर हैदराबादच्या Ma चिदंबरम मैदानार सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स पंगडा मजगती खेळ जातलो

आता परतून एक फावट मुखेल खबरो

तांत्रीक शिक्षण संचालनालय वैजकी, अभियांत्रिकी, फार्मसी, वास्तुशिल्पकला,आयुर्वेदीक तशेंच हेर वेवसायीक अभ्यासक्रमाच्या प्रवेशाचे अर्ज बुधवार, ७ मे सावन स्वीकारतले

भारतीय युनिक आयडेंटिफिकेशन अ‍ॅथॉरिटी UIDAI न/ नवी दिल्लीत जाल्ले राष्ट्रीय पात्रताय प्रवेश परिक्षा नीट (यूजी) 2025 वेळार चेहऱ्या प्रमाणीकरणाच्या वापराचेर संकल्पना पुरावो यशस्वीपणान केलो.

शिरगावच्या लयराई जत्रेत जाल्या खेटाखेटी उपरांत लयराई देवस्थान समितीन फाल्या जावपी कौलां उत्सवा खातीर अनू भयल्या भाविकांक देवळात भीतर येवपाक मनायी केल्या .

अस्नोडा उदका प्रक्रिया प्रकल्पाचे दुरूस्ती कामाक लागून 7 आनी 8 मे 2025 दिसा पुराय बार्देस तालुको आनी दिवचल तालुक्यातल्या कांय वाठारांत मर्यादीत उदका पुरवण जातली अशें उदका पुरवण विभागान कळीत केला.

नमस्कार